Panaji Regional

26th March 2026 7.20pm

Govt LPG – 135

भारताची पेट्रोलियम आनी एलपीजी पुरवणेची  स्थिती पुरायपणान सुरक्षीत आनी नियंत्रणांत आसा अशें पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान परतून सांगलां. सगळ्या किरकोळ इंधन दुकानांनी फावो तो साठा आसा आनी देशांत खंयच पेट्रोल, डिझेल, एलपीजीचो उणाव ना अशें मंत्रालयान सांगलां. भारताक सध्या संवसारभरांतल्या आपल्या 41 परस चड पुरवणदारांकडल्यान कच्चें तेल मेळटा. दरेक भारतीय रिफायनरी शंबर टक्क्यां परस चड क्षमतेन  चलता अशें मंत्रालयान सांगलां. भारता कडेन  वट्ट  74 दिसांची राखीव क्षमता आसा, जाल्यार प्रत्यक्ष स्टॉक सध्या सुमार 60 दिसांचो आसा.

देशभर एलपीजीचो उणाव ना अशेंय मंत्रालयान सांगलां. देशांतर्गत रिफायनरी उत्पादन 40 टक्क्यांनी वाडयलां आनी एलपीजीचें दिसपट्टें उत्पादन 50,000 मेट्रीक टन जालां-  जें देशाच्या गरजेच्या 60 टक्क्यां  चड आसा.  साठेबाजी आणि काळाबाजार आडावपाच्या उद्देशाने, राज्य सरकारां कडेन सल्लामसलत करून व्यावसायिक सिलिंडर्सच्या वाटपात ५० टक्क्यांनी वाढ केल्या.

Iran Hormuz – 100

इराणान भारत आनी चीन, रशिया ह्या सारक्या जायत्या इश्ट राश्ट्रांक होर्मुझ सामुद्रधुनीचो उपेग करपाची परवानगी दिल्या अशें इराणाचो परराश्ट्र मंत्री सैयद अब्बास अराघची हाणी सांगले. इराणनं हो म्हत्वाचो उदकामार्ग आडायल्या उपरांत संवसारीक पांवड्यार तेलाचे आनी सैमीक वायूचे दर वाडल्यात.  संवसारांतल्या सुमार २० टक्के कच्चे तेल आणि एलएनजी ची  वाहतूक  ह्या मार्गांतल्यान जाता. इराणाच्या विरोधकां कडेन संबंदीत आशिल्ल्या जहाजांक ह्या म्हत्वाच्या उदका मार्गांतल्यान वचपाक मेळचे ना अशें इराणाच्या परराश्ट्र मंत्र्यान स्पश्ट केलें. हो वाठार एक युद्धक्षेत्र,आनी आमच्या दुस्मानाच्या आनी तांच्या सहयोगी राश्ट्रांच्या जहाजांक तातूंतल्यान वचपाक दिवपाचे कसलेंच कारण ना अशें ताणें स्पश्ट केलें; मात  हेर राश्ट्रांक तो उक्तो आसा.

Mangalore port – 50

अस्तंत आशियांत चालू आशिल्ल्या संघर्शा मदीं एलपीजी शिपमेंट आयिल्ल्यान लोकांक दिलासो मेळ्ळा. काल रातीं 8 वरांचे सुमाराक अपोलो ओशन हें एलपीजी जहाज न्यू मंगळूर बंदरांत पावलें आनी त्याच रातीं unloading operations सुरू जालीं.   कच्च्या तेलाचे आनीकूय दोन टँकर्स बेगीनुच पावपाची शक्यताय आसा, मात वेळापत्रक अजून निश्चित जावंक ना अशी म्हायती बंदराच्या अधिकाऱ्यांनी dili.

Rashmi – 80

गोंयचो इंधन पुरवठो सामको सुरळीत आसा अशी म्हायती  गोंय पेत्रोल डिलर्स संघटनेचे अध्यक्ष नरहर ठाकुर हांणी दिल्या. लोकांनी panic buying करचे न्ही अशे आवाहन नरहरी ठाकुर हांणी केला. गोंयांत मुबलक प्रमाणात पत्रोल ,तशेंच डीजलाचो साठो आसा. हे शिवाय ह्या इंधनाचो रेग्युलर सप्लाय जाता अशे तांणी सांगले. पब्लीक बयिगांखातीर मागणी वाढला हे तांणी मान्य केला. इंधनाच्या टँकर बोट कालुच मुरगांव बंदराचेर पावला. गोयांक इंधनाचो 15 दिसाचो पुरवठो आसा अशी म्हायती तांणी दिल्या. इंधन सोपला ही फकत वावडी अशे तांणी म्हणला.

Rashmi – 115

गोंय पुलीस , न्यायालयीन विज्ञान, बंदखण, आनी भलायकी खात्याच्या सहकार्यान पणजे कला अकादेमींत 26 ते 28 मार्च 2026 मेरेन न्याय संहिता विशीं प्रदर्शन घडोवन हाडला. ह्या प्रदर्शनाचे उक्तावण आयज पुलिस म्हासंचालक आलोक कुमार हांच्या हस्तुकी जाले.

भारतीय न्याय संहिता चालीक लावपी गोंय हें पयलें राज्य जालां अशें पुलिस म्हासंचालक आलोक कुमार हांणी ह्यावेळार सांगलें.

ह्या प्रदर्शनांत न्याय संहितेवीशी म्हायती दीवपी 40 मिनटांचे नाटकुले ह्यावेळार गोय पुलिस कर्मचाऱ्यांनी सादर केले, तशेंच नव्या कायदेशीर चौकटी खाला सुरू केल्ल्या मुखेल खाशेलपणां आनी मुखेल सुदारणां विशीं विद्यार्थ्यांक, भागधारकांक आनी सामान्य लोकांक शिक्षण दिवपाचो हेतू आशिल्ले विशयात्मक जागृताय दालना हांगि थाटल्यात.. नागरिकां मदीं अद्ययावत कायदेशीर तरतुदीं विशीं जागृताय निर्माण करपाच्या आनी समजूत वाडोवपाच्या यत्नांचो हो उपक्रम एक भाग आसा.

Rashmi – 100

राम नवमीची परब आयज गंयात व्हाडा भक्तीभावा भक्तानी मनयली. रामाक पाळण्यात घालुन , तशेच राम जल्माची आख्यायिका सांगपी पदा गावंन हय परबेची सुरुवात जाली. ह्यावेळार भाविकांनी व्हडा आकड्यान देवळांनी गर्दी केल्ली.

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी मंत्री निळकंठ हळर्णकार हांचेसयकत कोलवाळच्या राम मंदिरात येंवन देव रामाचे दर्शन घेतले, तशेच राम जल्माच्या फाटभुयेंर रामाक पाळण्यातत घातल्याउपरांत पाळणे हलोवपाच्य धार्मिक विंधीत वाटो घेतलो. जाल्यार पणजे -भाटले चिचोंळे रामांच्या मंदिरात लगीत आयज व्हडा दबाज्यान कार्यावळी जाल्यो.

राम नवमीच्या परबेच्या फांटभुयेरं गोंयच्य गावगिऱ्या वाठारंनी धर्मिक तशेच सांस्कृतीक कार्यावळींचे आयोजन केल्ले. रामाच्या मुर्तेक फुलांनी सजयिल्ले. तशेचं देवळाची रोसणाय ही मनभुलोवपी आशिल्लयाचे चित्र ह्यावेळार दिश्टी पडले.

Prasad –

फोंडा तालुक्याच्या वेगवेगळ्या वाठारांनी राम नवमी उत्सव व्हड उमेदीन मनयलो. तालुक्याच्या जायत्या मुखेल देवळांनी हो उत्सव व्हड उमेदिन मनयलो, ह्या निमितान हजारांनी भक्तांनी श्री रामाचें दर्शन घेतलें आनी देवळान आयोजीत केल्ल्या धर्मीक कार्यावळींत वांटो घेतलो.बोरी फोंडाचें श्री नवदुर्गा देवूळ, महालक्ष्मीचे श्री महालक्ष्मी देऊळ , कपिलेशवरीचे श्री कपिलेश्वर देऊळ ,बोरीचें श्री साईबाबा देवूळ आनी हेर ल्हान व्हड देवळांनी हो उत्सव व्हड उमेदीन मनयलो. रामनवमी उत्सव निमतान बोरीच्या श्री नवदुर्गा देवळांत जात्रा सुरू जाल्या आनी आज रातच्या वेळार वीरभद्र मिरवणूक उत्सव जातली आनी उपरांत रथोत्सव जातलो. राम नवमीच्या निमतान फोंडा तालुक्यांतल्या जायत्या संस्थांनी वेगवेगळे संस्कृतीक आनी धर्मीक कार्यावळी घडोवन हाडल्यो. हजारांनी भक्तांनी श्री रामाचें दर्शन घेतलें आनी तालुक्याच्या वेगवेगळ्या तीर्थांनी खासा आयोजीत केल्ल्या पाळना उत्सवांत भक्तांनी वांटो घेतलो

DIP – 115

गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी रामनमीच्या शुभ प्रसंगार गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, रामनमीच्या शुभ प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक म्हजी उर्बेभरीत परबीं भेटयता. रामनम हो भगवान श्रीरामाच्या जल्मतिथीचो पवित्र उत्सव आसा. भगवान श्रीराम सत्य, सद्गूण, दया आनी आदर्श राजाचे मूर्तरूप आसा. मर्यादा पुरूषोत्तम म्हूण भगवान श्रीरामाची पुजा करतात. भगवान श्रीरामाची जीण आमकां सत्य, न्याय, मानवता आनी आमच्या दिसपट्टे जीणेत देवभक्तीची मुल्यां आत्मसात करपाक सतत प्रेरणा दिता.

ह्या शुभ प्रसंगार आमी धर्माच्या तत्वांप्रती आमची कटीबद्दता वाडोवया आनी शांतीकाय, सलोखो आनी आमच्या समाजाच्या भरभराटी खातीर एकवटान काम करूया.

रामनमीचो उत्सव प्रत्येकाच्या जीणेत खुशालकाय, बरी भलायकी आनी समृध्दी घेवन येव, आनी आमकां सत्याचो मार्ग दाखोव, अशें राज्यपालान संदेशात म्हणला.

Ponda – 105

फोंडा विधानसभा मतदार संघाच्या वेंचणूक अधिकाऱ्यांनी (Returning Officer) अनुपस्थित मतदारांच्या खाशेल्या वर्गांखातीर घरांतल्यान मतदान (home voting) प्रक्रियेच्या सुरू जाल्ल्याची अधिकृत घोषणा केल्या. भारतीय वेंचणूक

आयोगाच्या मार्गदर्शक तत्वांक अनुसरून,वेंचणूक अधिकारी पांडुरंग टी. तळगांवकर हांणी कळयलां की, ८५ वर्षां वयर पिरायेच्या ज्येष्ठ नागरिक आनी वेंचणूक डेटाबेसात विशेषरीत्या नोंद आशिल्ले दिव्यांग व्यक्ती ह्या सुविधे खातीर पात्र थरतले.

मतदान प्रक्रिया २९ मार्च २०२६ सावन सुरू जावन ३१ मार्च २०२६ मेरेन, अशे तीन दीस चलतली. ह्या काळांत, ज्या मतदारांनी पयलींच 'फॉर्म १२-डी' (Form 12-D) वरवीं अर्ज सादर केल्यात, तांच्या नोंदणीकृत पत्यार खासा वेंचणूक पंगडां भेट दितलीं. घरांतल्यान मतदान करपाची ही प्रक्रिया सकाळीं ९:०० ते सांजवेळा ५:०० वरां मेरेन जातली.

Rashmi – 160

मोपा विमानतळाचेर पॅक हावस उबारपाखातीर goa agriculture livestock marketing board तशेच gmr airport हांचेकडेन कबला केला. मोपा विमानतळाचेर तयार जावपी ह्या पॅक हावसात निर्यात करपी म्हाल वा वस्तु पॅक हावसाच्या मार्गदर्शक तत्वाप्रमाण पॅकेजिंक करप गरजेचे आसता. अपदा ( agriculture and processed food products export development authority ) संस्थेच्या मार्दर्शक तत्वाप्रमाण तशेचं पॅक हावस बांधपाखातीर सवलतीचो लाव घेवन उबारतले. गोंयचे शेतकार तांची पिकावळ निर्यात करपाक सखतले अशी म्हायती गोंय शेतकी संचालनालयाचें संचालक संदिप फळदेसाय हांणी दिल्या.
सैमिक पध्दतीन तयार केल्ली पिकावळ , तशेचं ह्या पिकावलीतल्यान तयार केल्ले वस्तु ह्यानफुडे निर्यात करतले. एप्रिल हयन्यात ह विंशी अपदा संस्थएक पॅक हावस बांधपाखातीर प्रस्ताव दितले. अपदान प्रस्तावाक मंजुरी दिल्या उपरांत ह्या पउकल्पाचे काम सुरु जातले. गोंयचो मानकुराद आंबो, भाजयो, काजु, नाल्लाचे पदार्थ, लोणचे, केळ्याचे जिन्नस, तशेच हेर जिन्नस निर्यात करपाक गोंय पॅक हावस महत्वाची भुमिका साकारतले. Air cargo पपधद्तीचो उपेग करुन गोंयच्य शेतकारांक , तशेंच पिकावळीची उत्पादना करपी उद्देगिकाकं फेरनांक बाजारपेठ मेळोवपाक ही महत्वाची माची थारतली असो विस्वास संदिप फळदेसाय हांणी व्यक्त केला.